चौरंग

कोंकणी कवीता झेलो

मिलिंद हरिश्चंद्र काकोडकार

।। श्री शांतादुर्गा देव्यै नमः ।।

“चौरंग”

(कोंकणी कवीता)

लेखक :

मिलिंद हरिश्चंद्र काकोडकार

साई-हरी पब्लीकेशन
वास्को-गोंय

मोगाक भेट
गोंय कोंकणी अकादेमी
243, पाटो कॉलनी,
पणजी, गोंय - 403001

चौरंग

(कोंकणी कवीता झेलो)

मिलिंद हरिश्चंद्र काकोडकार

प्रकाशन क्रम	:	13
पयली आवृत्ती	:	2014
हक्क	:	मिलिंद ह. काकोडकर (भ्र. ध्व. 9423055272)
प्रकाशक	:	साई-हरी पब्लीकेशन हेलेना अपार्टमेंट, सी-3, तीसरी माळी, स्वातंत्र पथ, वास्को, गोवा - 403802
मुखचित्र	:	नारायण पेंडसे, वास्को
अक्षरविन्यार	:	निधी हार्डीकर, वास्को.
मुद्रक	:	नेहा ग्राफीक्स, वास्को फोन : 2500488
मूल्य	:	रू. 80.00

CHAURANG

Konkani - Poems

MILIND HARISHCHANDRA KAKO

Publication No.	:	13
First Edition	:	2014
Right	:	Milind H. Kako
Publisher	:	Sai-Hari Public Helena Apt. C- Third Floor, Swatantra Path Vasco, Goa-403802
Cover Design	:	Narayan Pends Vasco.
Type Setting	:	Nidhi Hardicar, V
Printer	:	Neha Grafics, Va Ph: 2500488
Price	:	Rs.80.00

* 'चौरंग' कवीता झेल्यांतल्यो कवीता संगीतमय, कार्यावळींत आस्पाव करपाखातीर अणकाराखातीर लेखकाची मान्यता घेवची.

कोंकणी भाशेच्या मळार आपलो
मोलादीक वावर करप्यांक

“चौरंग”

कविता	नं
यो दामोदरा	1
देवा रे ऽऽऽ	2
पावसाचे दीस	3
टप टप पावस	4
सैम गान	5
परसमाधान	6
खोशेचो दीस	7
उमेद रंग	8
तुजे बगर	9
मन पिसोळे	10
जिवीत कवन	11
फाटले दीस	12
फुटिल्लें कर्म	12
मोगाचें ल्हार	14
दशा	15
पावलां तुजीं	17
जल्मा पांगड़ी	19
काळखी	20
संपिल्ली जीण	21
सोरपाचें घर	22

कविता	नं
म्हजी वळख	23
हताश मन	24
याद तुजी	26
प्रस्न	27
यादीचें वजें	28
दोश	29
निमणी चीट	30
विसरून वच	31
म्हजें रागणें	32
भोगोस	33
मनांतलें	34
विसर	35
दिव्यांची माळ	36
आयली दिवाळी	37
उजवाडाची परब	38
जैताची वात	39
रडटा भूंय	40
धर्तरी	41
अयजयकार	42
राखण	43

कविता	नं
भारत ध्वज	44
अमर भूंय	45
सोपूत	46
नंदनवन	47
आयज गायात	49
भिजूड	50
म्हानदेश	52
भारत देश	54
निरोप	56
भांगरा भूंय!	57
रावता अंता (भैरवी)	60
आरती-परती	61
गोंया रे गोंया SSS !	63
रगताची होळी . . . !	65
सरणावेलें सपन	68
सत्री	72
तुज्या दारांत (कोंकणी कव्वाली)	75
तुटिल्ले घुंगरू (मुजरो)	77
मनरीजवण (मुजरो)	79

‘चौरंग’ (लेखकाचें मनोगत)

“चौरंग” हो म्हजो दुसरो कोंकणी कवीता झेलो तुमचे हातांत दितना म्हाका भौखोस भोगता. म्हजो पयलो कोंकणी कवीता झेलो आसलो ‘मंथन’. ताका सगळया कोंकणी सहित्य-मोग्यानी व्हडा काळजान येवकार दिल्लो. तातूंतल्यान स्फूर्त घेवन हांवे कितलीशींच पुस्तकां बरोवन प्रकाशीत केलीं. याच पुस्तक मंथनातल्यान आतां “चौरंग” या कवीता झेल्यान जल्म घेतला.

“चौरंग” हो कवीता झेलो मात्से वेगळे धाटणीचो आसा. हातूंत कोंकणी मोग्यांक सगळे तरेचे भाव, रंग दिसून येतले. कवीता, गीतां, देश गीतां, सणाची गीतां, कव्वाली, गझल, मुजरो, अभंग, भैरवी अशीं जायती आंगां या झेल्यांत आस्पाव केल्लीं आसात. हाचे फाटलो एकूच आंवडो म्हळयार कोणेच अमकें वा तमकें ना म्हूण शिणूंक जायना इतलेंच. मोग, राग, उमेद, इत्सा, उमाळे, अभीमान, मागणे, दुःख, विनोद, सारकिले भाव या रचनेत तुमका खासा दिसून येतले. वाचतल्यांक अमकेंच ना अशें दिसूंक जायना. म्हूण सगळयांचोच विचार करूनूच हो “चौरंग” तयार केला!

या “चौरंग” झेल्याक तुमी कशे येवकार दितात तें तुमचेरूच आदारून आसा. हातूंतले हे चौरंग सगळे समाजांतल्या घडणुकांचेर केंद्रीत केल्ले आसात. या झेल्यांतल्या प्रत्येक रचनेचो विशय हो सामाजीक, भौशीक जावन आसा आनी या समाजांत जियेतना ज्यो ज्यो घडणुको हांवे म्हजे नदरेंतल्या पळयल्यो, तांचो अणभव घेतलो आनी तातूंतल्यान म्हजे खंयचे खंयचे भाव जागृत जाले आनी त्याच भावनेतल्यान या झेल्याचो उगम जाला अशें म्हाका दिसता.

"चौरंग" या साहित्य रचनेची म्हजी भास-रचना सामकी स
म्हळयार, जाणटे ते नेणटे मदल्या खंयच्याय साहित्य मो
वाचपासारकी. या झेल्यातल्यान सगळयांकच आनंद मेळचो आनी म्ह
जें कितें सामकार दवरपाचें आसा तें सगळयांक कळचें अशी म
भावना या झेल्या फांटल्यान आसा.

हातूंतलें साहित्य हें कोणाचेर आरोप करपा सारकिलें, अप
करपा सारकिलें, वा कोणाच्यो भावना दुखोवप, कोणाची नसाय क
कमी लेखप असे तरेचें नासून निखळ एके तरेचो आनंद, समाध
सगळयांच मेळचें याच दिश्टीन निर्माण केल्लें आसा. तरी लेग
कोणाच्याय भावनेक, विचारांक, मतांक, आत्मसन्मानाक जर या साहि
रचनेतल्यान प्रत्यक्षांत वा अप्रत्यक्षांत त्रास जालो वा खंत भोगल
जाल्यार म्हाका माफ करपाचो यत्न करचो.

तसो हांव स्वत:क व्हडलो कवी, नाटककार, लेखक अ
समजना, पूण दिसता की या समाज जागृते खातीर, सेवे खातीर, साहि
सेवेखातीर, कोंकणी मोगा खातीर साहित्यीक निर्मणी जावची अ
काळजा थावन इत्सा आशिल्ल्यान हांव हें कर्म करीत आसा. जो में
कलम चलतली तो मेरेन साहित्य निर्मिती जायत रावतली, कोण जा
फुडाराक कशें, कितें जायत तें?

देव बरें करूं.......

लेखक
मिलिंद हरिश्चंद्र काकोडकार

प्रस्तावना

"चौरंग"

कवीता झेलो, सादी सोंपी सुटसुटीत कविता

फाटलीं साबार वर्सां जालीं. कोंकणी कवितेचो झरो अखंड व्हांवता. कोंकणी कविता पयली झळकली ज्ञानदेवाच्या गौळणीत, चार गौळणी जातकच येता ती पांचवी गौळण कोंकणी, कवितेच्या रूपान कोंकणी गवळणीचें रूप घेवन आयली आनी ती फुडें येत रावली. उपरांतच्या काळांत कृष्णदास शामा वा कोंकणी मनीस आशिल्ल्या संत सोयरोबा आंबिये मेरेन, अंतस्करर्णातलो दिवो पालोवंनाका हयो वळी मराठींत आसात. पूण भाव मात कोंकणी. उपरांत मदल्या काळांत कोंकणी कविता शणै गोंयबाब ये मेरेन अप्रगट रावली. प्रगट खंय खंय जाल्ल्योय आसत, पूण ती व्हांवत्या उदकाक जशें मुठीत धरूंक मेळना तशी धरलीना. लोकवेदांतल्यान, फुगडयांतल्यान, गीत गायनांतल्यान, देखणी गितांतल्यान, कांतारांतल्यान केन्ना माडा वयल्या रेंदेरान तिका होरायली तर केन्ना शेता मेरेर लुंवता, नणतना ओणव घालून माथ्यार भर पावसांत कोण्णो फाटीर मारिल्ल्या कामेऱ्यांनी. कोंकणी कवितेचें हें गिरेस्त दायज उपरांत शणै गोंयबाबांच्या गोंय म्हजें व्हंकल कशी पाचव्या चुडयान नटलेली, जावं मनोहर, बाकीबाब, बयाभाव पसून आतां माधव बोरकारा मेरेन ती तरण्या नव्या दमाच्या कवींकडेन व्हांवत आयल्या. देखून कोंकणी कविता मोडणां घेत कुसां बदलतना आपले तरेतरेचे अविश्कार दाखयत फुडें वता.

अशा हया प्रवासांत कोंकणी कवितेक फुडें व्हरपाच्या कामांत जायत्या कवींचो हातभार लागला. तातूंत आतां आनीक एका नांवाची भर पडटा आनी तें नांव म्हणल्यार मिलिंद हरिश्चंद्र काकोडकार.

मिलिंद कविते भायर नाटक, निबंद, कथाय बरयता. मंथन या क
झेल्या उपरांत आतां "चौरंग" हो तांचो दुसरो कवितां झेलो तो
तागेले खाशेले शैलींत कोंकणी कवितेचे वासरेंत आय

चौरंगांतल्या कविताचेर जेन्ना नदर मारली
पयलेच नदरेंत मोग जावचो तसो, पयल्याच वाचपांत ताच्या का
म्हज्या काळजांत पकड घेतली.

कविता ही गुढ आनी अव्यक्त कशी दुसऱ्याक समजुपाक क
जावची अशें कांय कवींक कित्याक दिसता तें खबर ना. पूण क
चड 'ॲबस्ट्रॅक्ट' आसप म्हणल्यार कविता दर्जेदार आसता असो बी
जाणांचो समज (?) आसता. मिलिंदाचो तसो समज ना ही
गजाल. कारण ताका ताची कविता वाचतल्यांक समजूंक जाय हो त
पवित्र हेतू आसता आनी प्रत्येक कवीचो तो हेतू आसपाक जा
कवितेंतलो एखादो विचार वा भावना लख्ख बरी व्यक्त जा
जाय. कविता ही वाचप्यां खातीर आसता. ती धुवे भशेन आसता.
लग्न जावन घोवाघरा वता, तशी कविता ही वाचप्याच्या घरांत म्हणल
मतींत वता. मतींत रावता, बरी कविता वाचप्याच्या मनांत चीरकाळ
करून रावता. एके बरे घर नंदयतले घरंदाज सुने भशेन.

मिलिंद काकोडकाराच्यो एकूण कविता हयो वाचप्याच्या घ
घर करून रावपाचे तांकीच्यो आसात, कारण त्यो खूब सादे विचार अ
साद्यो भावना घेवन आयल्यात, तातूंत सरभोंवतणचे साबार विचार प्र
जाल्यात. भक्तीमार्ग हो दर 'गॉड फियरिंग' मनशाचो स्थाईभाव
सभावीक गूण. ईश्वर संकल्पनेंतल्यान जो ईश
आमी निराकारांतल्यान साकार करीत ताका मुर्तींत पुजतात आनी

भजतात तेन्ना तो निखटो पाशाण फातर नासता, ताका आमी जीव ओतून सजीव करतात आनी ताचे कडेन सरळ संवाद साधतात. हें भक्तीगितांनी वा अभंगांनी जाता. पळयात 'यो दामोदरा' ह्या पयल्याच कवीतेंल्यान तूंच आमची शक्त देवा, तूंच आमची स्फूर्त देवा अशें बरयत मिलिंद देवा रे देवा म्हणत, ह्या संवसारांत देवा बगर कांयच ना अशें ठासून सांगता. ईश्वराचें दर्शन जावप म्हणल्यार कितें फकत देवाची पिंडीकेर पुजेक लागिल्ले निर्जीव मुर्तीक पळोवप काय ते मुर्तीत जीव ओतून ताका होरावप? पूण व्यक्त जावपाक कवी लागींचो दामोदरा बगर दुसरो नासता. जशी भक्ती तशें सैम. सैमाची रूपां, पावस, वत, मळब, दोंगर, झरे, न्हंयो, उक्तीं मळां-खळां, सगळेंच कवीक मनभुलयणें. कवी मिलिंदान आपणाल्या कवितांनी निसर्ग वा सैम सादे सोंपेपणान हाडला. पळयात,

हरवी हरवी धर्तरी नटली पानान,
भरून गेली वासा फुलान,
माणकुल्यांची माणकुली व्हडीं,
व्हावन गेलीं एकाच ल्हारान.

पावस, सगळयांकच भूल घालता, आनी पावसा बगर खंयच्याच कवीक कविता बोरोवंक जावची ना आनी पावस म्हणल्यारच आख्खो सैम. तातूंत फुलांफळां, सवर्णी सुकर्णी, झरे-वझरे, दोंगर-न्हंयो, कळे-मळे, मळब निळें, सगळें सगळें आयलें आनी हें सगळें मिलिंदाच्या कवितांनी ठळक आसा.

मिरयेल्ल्यो पाकळयो खुजी वाड आसली,
रंग–सुवासाची जिवीतकाय नासली,
प्रकृति जल्मभूंय तींच सगळीं आसलीं,
अन्यायान उमेदीचीं सपनांच विरलीं .

सैमांतल्यो ह्यो सगळयो प्रतीकृती 'पर्सनीफायड' म्हणल्यार मनशां व जावन कवीच्या काव्यांत उबीं जाल्यांत .

'मोग' हो कवितेचो स्थायीभाव, मोगा बगर कविता अळण मोगांतल्यानच कविता जल्माक येता . कारण मोग ही भावना उत्स स्फुलींग आसता . 'Spontaneous overflowing emotions' . इंग्लिश कवीची हीं उतरां, कितलीं खरीं . तशी उत्स काव्यां मिलिंदान सादे सोंपे आनी सरळ भाशेंत बरयिल्ल्यान साम वाचप्याक ती भावता . तातूंत लयबद्द गितां आसात गावपा सारक दोग जाण गायतात तें डयुएट कांतार पळयात,

तो – कसलो हो मोग, म्हज्यान सोसूंक जायना,
काळजा दशा कशीच पळोवंक जायना,
तें – म्हाका कांयच कळना खंय हांव शेणलां,
पयलेच खेपे मोगांत, काळीज म्हजें पडलां .

हें गीत गायतकच कानाक सुमधूर कर्णमधूर लागले बगर रावचें न संगीतबद्द करपा सारक्यो अश्यो जायत्यो कविता ह्या कविता झेल्य गुंथल्यांत . मोग, विरह, वासना, भावना, सूख–दुख्ख आनी खोशी सगळे रोस मिलिंदाच्या कवितांच्या ओळींनी उपाट भरून व्हांवतात तांणी दीर्घ कविताय बरयल्यात . कोंकणींत दीर्घ वा लांब कविता, काव

कथिकेक सोबतात . देखीक, 'भांगरा भूंय' . ह्या कवितेंत गोंयची काणी सांगता . कवीन आपणें कितें वाचलां, आयकलां आनी तें मानलां, तें बरयलां, देखीक, 'एक आशिल्ली भांगरा भूंय

भगवान परशुरामान निर्मील्ली' .

हें कवी चिकित्सक वा विचार करून बरयना, पूण आदी कोणें तरी सांगलां, बरयलां तेंच आपूण सांगता . कवी-लेखक हो विचारवंत आसता आनी ताणें खंयचेंय विधान जें आसता तें विज्ञानीक नदरेन, भुगोलीक नदरेन कसाक लावपाक स्वताचे बुध्दीचे साणीर घांसून पळोवपाचें आसता . परशुराम ही दंतकथा म्हण बरी आसा पूण एक मनीस भूंय निर्माण करता, बाणान दर्याक पयस धुकलता ह्यो भाकड कथा मनरिजवणा पुरत्यो पुरो आसतात . मात त्यो दंतकथा म्हणूनच उरूंक जाय . त्यो खऱ्यो मानप हें खंयच्याच बुध्दीवादी विचार प्रतिभावंताक सोबना . कवी-लेखक, साहित्यकार हे प्रतिभावंत, विचारवंत, चिकित्सकूय आसूंक जाय . देखून तो सर्वसामान्य मनशा परस वेगळो आसता .

मिलिंद काकोडकारांचो हो दुसरो कवितां झेलो आसा . फुडें बरें बरें काव्य येवचें आसता . दोन कविता झेल्यान 'कवी' ही पदवी प्राप्त जायना हें मिलिंदबाबान ध्यानांत दवरून कोंकणी कवितेची साधना अशीच फुडें चालू दवरची आनी कोंकणी सरस्वतीच्या गळयांत कथालंकार घालीत रावन कोंकणी मातेक गिरेस्त तर करचीच, बुध्दीवादी आनी विचारांनीय करची, कारण तिका जगांतल्या हेर भासांतल्या कविते कडेन सर्त करपाची आसा .

मिलिंदबाबा कडल्यान अदीक बरी अशी दर्जेदार काव्य
जावची अशी शुभेत्सा प्रगट करता . म्हाका प्रस्तावना बरोवपाक
तांणी म्हाका खूब व्हडपण दिलां .
देव बरें करूं !

तुमकां फुडले जिणेंत येस आंवडेतां .

– सुफला रूद्राजी गा
मिरामार, पणजी–गोंय

यो दामोदरा

यो रे यो रे दामोदरा ऽऽऽ
दी तुजें दर्शन या निराधारा

तूंच आमची शक्त देवा
तूंच आमची स्फूर्त देवा
तूंच आधार आमचो देवा
तारक आमचो तूंच देवा
योरे योरे . . .

रूपां तुजी कशीं संवसार भर तीं
प्रत्येकाची विंगड आसा किर्ती
तूंच शंकर म्हादेव, मंगेश
तूंच माल्लिकार्जून, तूंच नागेश
यो रे योरे . . .

ओडलायणे रूपान पिशें तुज्या भक्तीचें
नामस्मरणान तुज्या जावंदी निर्माल्य कुडीचें
आतां कसली ना ती इत्सा
दर्शन दिवन पुराय कर विच्छा .

देवा रे ऽऽऽ

देवारे ऽऽऽ देवा रे देवा रे देवा ऽऽऽ
करतां तुजी प्रार्थना, गावंक गुण वर्णना
तुजे बगर कांयच ना, देवा रे देवा,ऽऽऽ

जल्म मरणाचो खेळ, खबर ना ताचो मेळ
दिसता तरी परतना, पासार जालो फाटलो वेळ
कितलीं तुजी रूपां, तिंतली आमची पापां
म्हौंव जाळांत घुस्पत उरता
देवा रे देवा . . .

दिसता तुजें दर्शन जावचें
जिणेचें सार्थक जावचें
मायेंतल्यान मुक्त जावन
चरणामदी जिवीत सपचें
तूंच तो दिवपी, तूंच तो व्हरपी
नवें नवें निर्मिपी
देवा रे देवा . . .

कितलें जोडलें कितलें मोडलें, जिवीत अशें सोंपून गेलें
जेन्ना तुजें स्मरण जालें, तेन्ना हातां काय नासलें
तुजो खेळ तूंज जाणा, सुख दुःख तूंच जाणा
तूंच निमणो मार्ग रे
देवा रे देवा . . .

पावसाचे दीस

पावसाचे दीस आयाले आयले
शीतळ वारे सुटलें सुटलें
धर्तरि लोक खुश जाले
उदक आनी उदक सगळयाक जालें

हरवी हरवी धर्तरी नटली पानान
भरून गेली वासा फुलान
माणकुल्यांची माणकुली व्हर्डी
व्हावन गेलीं एकाच ल्हारान
पावसाचे . . .
शेतकार आयलो नांगर घेवन
मोर नाचलो पिसां फुलोवन
घरां-घोटेरांत बाबडी सुकणीं
बसून रावलीं पावसाक भिवन
पावसाचे . . .
वीजुबाय दिस्तकच घडघड जालो
खीणाक उजवाड वाठारां फाकलो
भीवन सगळीं थंयच थिरावलीं
दिसलें देवान तांचो फोटो काडलो

पावसाचे . . .

टप टप पावस

टपटप पावस पडटा
धर्तरी शितळ जाता
ग्रिश्म रूतून सुकून गेल्ली
हरयाळेन भरून वता . . .

कितली उमेद ती पयल्या पावसाची
दिसता भिजून मयुरावरी नाचपाची
घडघडो जाता, विजुबाय लकलकता
ना आतां चिंता वादळी पावसाची

व्हाळ, न्हयो भरून दर्याक ल्हारां फुटलीं
कागदा व्हडीं सोडून, पोरानी खोस लुटली
सृष्ट, सुकणी, सावजां भिजत उरलीं
वरूण राजान सगळयांची मस्ती जिरयली

सगळें आता शितळ ना हुमे गंध
ओलसाण मातयेचो वास येता मंद मंद
चातक जावन आतां खावचो मकरंद
कितली गोडी पावसाची, लायलो आमका छंद . . .

सैम गान

फांतोड जाली, सुकणी उडली
रातराणी ल्हवू ल्हवू ऽऽऽ , धर्तरी सोडून गेली
कुपां भांगरान चीप्प भिजलीं
कळया कळयानी ल्हवू - ल्हवू ऽऽऽ
फुलां रूपां घेतली, ओ वसुंधरा परमळीत जाली ॥ धृ ॥

दोंगरा पलतडीन सुर्या देवान, दोळे उगते केले,
दंवान भिजिल्या हरयाळेन, येवकारा हात दिले,
उजवाडाचें गंध न्हाण घेवन, सृश्ट नटून आयली
ओ ऽऽऽ वसुंधरा परमळीत जाली ॥ 1 ॥

शेतकार गेलो शेतांत आपल्या, पीक मोतयां काडूंक
आयलो माळी बागेंत ताच्या, फुलां वांगडा धोलूं,
कामधेनु मारता उलो ऽऽऽ दुदाक धार आयली
ओ ऽऽऽ वसुंधरा परमळीत जाली ॥ 2 ॥

सारोवन आंगण सवायशिणीनी
रांगोळ तुळशी पेडार
मंगळ गितां गावन आरत
दिता नव्या दिसाक येवकार
परजळ्ळ्यो धायी दिको ऽऽऽ नवी उमेद जागली
ओ ऽऽऽ वसुंधरा परमळीत जाली ॥ 3 ॥

परसमाधान

सैमांत कितली फुलां फुल्लीं
रूप-परमळान सगळीं पिशीं जाल्लीं
जायते मोगी फुलां गंधान पावले
पूण एक फूल अशें ना कोणा नदरेक पडलें !

दु:खान ताणे मान सकयल उडयली
मुळांतल्या उदकांत सोबीत काय पळयली
विद्रुप भयांकृत रूप पळोवन अजापलें
सैम निर्मणीचें वायट ताका दिसलें

मिरयेल्यो पाकळयो, खुजी वाड आसली
रंग-सुवासाची जिवीत काय नासली
प्रकृति, जल्मभूंय, तींच सगळीं आसलीं
अन्यायान उमेदीची सपनांच विरलीं

फुलांमाळांत मोगी सगळे भुल्लुसल्यात
सर्गिचे सुख कशे उपभोगतात
गायतात, नाचतात, हांसतात, धोलतात
मोगाच्या हुंवारांत पिशांवरी न्हांवतात

निमणें फुलाक 'त्या' उमगलें सगळें
नशिबाचेच भोग, ताका अशें दिसलें
दुसऱ्याच्या सुखांतूच आसा सुख आपलें
व्हड काळजान आपलें समाधान केले .

खोशेचो दीस

दीस आसा आयज हो खोशेचो
घेयात तुमी लाव या दिसाचो
गायात तुमी, नाचात तुमी
सूर्य मळबांत उदेला भांगराचो

कोण जाण, कितें घडट्टा
हांसता हांसताना रडपाचें पडटा
दु:ख तुमी जायनाकात
काळीज कोणा केन्ना दुखोवंक नाका
सगळयांक तुमी सुख दिवपाचें, विस्वासान काम करपाचें
गायात तुमी . . .

आमी येतात आमी वतात
येतना रडटात वतना रडयतात
सत्यान आमी चलूंक जाय
दुसऱ्यांक पालव सदां दिवंक जाय
खोशेचो वांटो सगळयांक दिवपाचो, दुकांचो वांटो वांटून घेवपाचो
गायात तुमी . . .

उमेद रंग

आयज म्हाका गायन दिसता
सुकण्यावर्रीं उडन दिसता
सप्तरंगा इंद्रधणूत
उमेदीन म्हाका रंगन दिसता
आयज म्हाका

काळखी रात सोंपली आयज
सुटलें गिराण उजवाडाचें
धायी दिको पर्जळळयो
आयले दीस कशे भांगराचे
आयज म्हाका

नशीबातली पयली रात पुनवेची
आसा शितळ चान्न्याची रे चान्न्याची
दिसता सर्ग दोन बोटांचेर
जातलें एक दीस राज्य ताचेर
आयज म्हाका

धविफुल्ल उजवाडाची रात
दु:खाचो दुस्वास करता कशी
गरूड झेंप आयज म्हजी
देखतां कोण आडायता कशी
आयज म्हाका

तुजे बगर

म्हाका मोग तुजो कितलो, कसोच सांगू जावचोना
पूण एकूच सांगूक सोदता की, तुजे बगर जगचोना
म्हाका . . .

कितलें पयस तूं आसलें, तरीय लागींच दिसता
मोगान पिंशे जावप कितें, हांव तो अणभव घेता
म्हणटालो जिणेंत मोग, केन्ना करचो ना
पूण एकूच सांगूक . . . .

तुका कोणे पळयत जाल्यार, काळजाक जळ जळ जाता
थकालस घेवन ताका, सदांच समजायत आसता
कितली जतनाय करता ताची, तुका तें कळचेंना
पूण एकूच सांगूक . . . .

पिशांवरी स्थिती म्हजी, अस्वस्थ सदांच आसता
म्हजेंच तूं आसून लेगीत दुबाव मनांत येता
दुस्वास काय मोग पिशें, तुका केन्ना कळचेंना
पूण एकूच सांगूक . . . .

मन पिसोळें

उड रे मना पिसोळयावरी, रंगाची उधळण करीत
फुलां फुलांचे म्होव चोखीत, परमळा न्हाण करीत ||ध्रु||

फुलां कितलीं बागेंत फुल्ल्यांत
दितात येवकार सगळयांक
प्रसन्न जावन धोलतात कशीं
बाळकावरी हांसतात कशीं
रावरे मनां अशेंच तू, दुकां तुजी पयस करीत
उडरे मना . . . . . ||1||

मना म्हज्या दुखी तूं जावं नाका
सुख ना म्हूण केन्ना रडूं नाका
अस्थीर तूं जायत जाल्यार
पिशें तुका लागत जाल्यार
राव रे मना समाधानान, आनी कसली आस नाधरीत
उडरे मना . . . . . ||2||

दुस्वास करप मना सोडून दी,
थोमणे मारतल्यांक मारूंक दी
गजराज आपणा वाटेन वता
श्वान भोंकपाचो भोंकीत आसता
चल रे मना तुज्या धुंदेत, ना पर्वा कोणा करीत
उडरे मना . . . . . ||3||

जिवीत कवन

जिवीत हें दर्याभशेन,
जितलें उथळ, तितली खोलाय,
जिवीत हें मोगा कवन
दर एक काळजान गावंक जाय
जिवीत . . .
जिवीत एक उमाणें कशें
जिवीत आसा किर्ण आशेचें
सुख दुखाचो सांगाती तें
जिवीत उतर एक भरवंशाचें
जिवीत . . .
जिवीत एक वचन कशें
दिलें जाल्यार पाळप जशें
जिवीत एक विस्वासाचें
धपिल्लें दार सर्गीचें
जिवीत . . .
जिवीत कोणचो आदार रे,
कोणा कोणाचो फुडार रे,
जिवीत अिबाडपाची वस्त न्हय रे
देवान दिल्ली लागपी सोर्त रे . . .
जिवीत . . .

फाटले दीस

कोणूय तरी धाडून दियात, फाटले म्हजे दीस
फाटले म्हजे दीस रे बाबा उमेदीचे दीस
कोणूय तरी . . .

केन्ना कसली खंत नासली
ना कसली चिंता आसली
सगळें कशें हांसत खेळत
जियेपाची गोडसाण आसली
आतां दिसता, नाकारे बाबा, कटकटीचे दीस . . .
कोणूय तरी . . .

ना कसली गाळ तोंडांत
ना कसली हाव काळजांत
मेळळें जाल्यार पोटाक खालें
ना जाल्यार न्हिदून रावलें
आतां आसून खावंक मेळना, व्याधी फांटल्यान वीस
कोणूय तरी . . .

कसलो मनांत मोह नासलो
सगळयांचो तो मोग आसलो
जाती धर्माचो खेळ नासलो
खोशयेचोच मेळ आसलो
आतां पावाला पावलाक झगडीं, दुस्वासाचे दीस
कोणूय तरी . . .

फुटिल्लें कर्म

तुज्या मायेन, तुज्या मोगान, म्हाका सगळें मेळ्ळें
कोणा काळान, खंयच्या वेळान, देवा ऽऽऽ नातें जालें
नाका रे मोग तूं करूं, दी कसो, तूं तो सोडून
तुवें मोग केन्ना केल्लो, चल रे तूं तो विसरून

रातीच्या पारार, सपनांत भिवन जागें जाता
कोण तरी मोगा, जिवार्शी तुज्या खेळटा
जायना पळोवंक, भोगणार तुजे, देवा म्हज्या सपनात
कित्याक ती दृष्ट येता फुटिल्ल्या म्हाज्या दोळयांत
नाका रे . . .

खऱ्या प्रेमाक, मोल ना, आमच्या या संवसारांत
कित्याक बेश्टो तिश्टता, मोगाच्या तूं या वादळांत
हांव तें निराधार, ना घर ना दार सुख कशें तें दितलें
कर्म कुटिल्लें, फुडार तुजो रे, दुकां करून उडयतलें
नाका रे . . .

मोगाचें ल्हार

रूप तुजें सोबती पळोवन, पिसो हांव जालो
मोगाच्या एकून ल्हारान, पुराय न्हावन गेलो

चंद्रिमाचें रूप तुजें, सर्गातली कशी मेनका
एकूच उमो घेवपाची, संद दी म्हाका
मोगाची जाणविकाय, केन्ना तशी जावंक ना
पयलेच नदरेन पळयतांच, काळीज जाग्यार उरूंक ना

दिसता हो म्होवाळ रूपकार, असोच अज्रंवर उरचो
शंबर फार्टी जल्मा आयल्यार, तुजोच सांगात मेळचो
असली रचणूक एकदांच, परत ताची शास्वती ना
म्हूण सांगता दी उतर, कोणाचेंच तूं जावचें ना

दशा

तो :- कसलो हो मोग, म्हज्यान सोसूंक जायना
काळजा दशा कशीच पळोवंक जायना
जेवणखाण सगळें विसरून गेलां
कित्यांतूच मन म्हजें रमना
तुजो मोग तुजो मोग म्हाका जाला . . .

तें :- म्हाका कांयच कळना, खंय हांव शेंणलां
पयलेच खेपे भोगांत, काळीज म्हजें पडलां
म्हाका मोग मोग मोग तुजो जाला . . .

तो :- अचकीत उमळशीक काळजांत उट्ठा
आटापा येना, कुडीत त्रास जाता
कसली ती आस बाये तुज्या मोगाची
मोगा दुखण्यान पीडा वाडटा काळजाची
तुजो मोग . . .

तें :- दिश्टी पडटांच तूं, काळीज बेठेंच धडधडटा
जिबेवेल्या उतरांक कांपरो कसो भरता
दिसता तुवें येवचें, वेंगेत तुज्या पिसडावचें
पूण हय न्हय शी भिरांत कित्याक ती दिसता,
म्हाका मोग . . .

तो :- हाकाच म्हणटात मोग काय जुवानपण
सैमान भरिल्लें म्होंव चोरपा जाता पिशेपण

तें :- तापलेल्या काळजाक शितळ कर तूं आता
हुबय गुलाल मोगाचो, म्हाका कितेंशें जाता

दोगांय :- म्हाका मोग मोग मोग तुजो जाला
तुजो मोग मोग मोग म्हाका जाला

पावलां तुजीं

तो:- पावलां तुजी, दर्यावेळेर, उदेतात कशीं मोवाळ रेवेंत,
तें:- काळीज म्हजें पावलांक तुज्या, पिशें कशें घेता वेंगेत
तो:- अगो यो गो तूं, गोपांत म्हज्या यो,
तें:- अरे यो रे तूं, काळजांत म्हज्या यो .

तें:- शांत शांत दर्या, येतात ल्हारां देगेर
मोगाच्या आशेन कशीं, येवन पडटात रेंवेर
तो:- ल्हारां वांगडा पिसो हांव, कसो तो उर्को भारान
पावलां मेजीत तुजीं, भिजता दर्या ल्हारांन

तें:- अरे यो रे तूं. . . . .

तो:- शीतळ शीतळ वारें, धोलतात माड देगेर
दोनूय काळजांक पळोवन, कोगूळ गायता तेंगशेर,
तें:- मोगान वारो पिसो कसो सैर- भैर गांवा शिमेर
खबर दीत सगळयांक, लोक उबो शेता देगेर

तो:- अगो यो गो तूं. . . . .

तें:- आतां हांव आनी तूं, ना आनी कोण हांगा
तो:- भोंवर मारूया मळबांत, वांगडा आमी दोगां
तें:- ल्हारांचो फेणेर तो, मोगाचो शिंवर कसो
तो:- काळजांतलो मोग आमचो, दर्याचो थाव जसो

तें:- अरे योरे तूं.....
तो:- अगो योगो तूं.....

जल्मा पांगड़ी

चली :- तूं मरे, तूं मरे, म्हजोच मोगरे ऽऽऽ
जेन्ना तुका पळेलो, तूंच म्हजो जालो
म्हज्या काळजाक बाबा, उजो कसो पटेलो
आतां हांव सगळयांक सांगपी, म्हजो तूं, म्हजो तूं

चलो :- तूं म्हगो, तूं म्हगो, म्हजोच मोग गो,
जेन्ना तुका पळेलें, तूंच म्हजें जालें,
म्हजें काळीज बाये, पिशें कशें जालें
आतां हांव सगळयांक सांगपी, म्हजें तूं, म्हजें तूं

चलो :- तूं म्हळयार म्हज्या जिवीताचो परमळ गो
या परमळपी तूं मोगाचें फूल गो
चंद्रिमाक लजोवपी इतलें सुंदर रूप गो
त्याच मळबांतलें लकलकपी चान्ने गो

चली :- तूं म्हज्या जिवींतांतलो भांगराचो तिबो रे
त्या भांगराच्या तिब्याचो, तूं राखणदार रे,
तूं म्हळयार म्हजें सर्गीचें सुख रे
त्याच सुखान म्हजी कूड तुका ओंपची रे

चलो :- दोन कळजां आमचीं केन्नाची एक जालीं
चली :- एक जातांच कशी मोगाक भरती आयली,
चलो :- दिसता आमी दोगांय जल्माचीं वांगडी गो
चली :- निमण्या स्वासा मेरेन उरतलो वांगड हो

काळखी

म्हाका तुजी याद येता,
उतरां काळजांत तुर्जी आसात
कित्याक गेलो सोडून म्हाका
तुजेविणें संवसार हो नाका
म्हाका . . .

तरणेपणांत मोग जालो
जुवानपणांत मोग फुल्लो
पावला-पावला सांगात दिलो
आनी अचकीत ना जालो
म्हाका . . .

आदार म्हजो तूंच आसलो
जिणेचो फुडार तूंच आसलो
सपनांचो रूख तूंच आसलो
कुर्डीतलो आत्मो तूंच आसलो
म्हाका . . .

मोगा उमेदीन आमी भोंवलीं
संवसारा थळां सगळीं सोंपलीं
सपनांतली काणी सपनांत उल्ली
जिवीताची काळखी जाली
म्हाका . . .

संपिल्ली जीण

जीण म्हजी अशीच संपली
पानां विना झाडा सावळी
दिसलें कितें तरी दिवचें तुमका
पूण उरिल्ली वाळटी खावन गेली

दीस सोंपले, वर्सा सोंपली, कश्टांक लिकलिकसाण ना ती आयली,
हावेस–सपनां रचीत गेली, साकारपाची शीम ना ती मेळ्ळी

जीणेक जाल्ले खोस, मनीस जल्माची
बुदवंत, रूपेस्त, भांगरा कातीची
भरभरून सैम दीत म्हाका गेलें
पूण मोल ताचें ना कोणाक कळ्ळें

चंदनावरी झरयत गेले, मजती वेळार विसरून गेले
निमण्या स्वासा मेरेन वाटत रावली, आनी म्हज्यांतली ती मरून गेली!

सोरपाचें घर

म्हजी सपनां म्हजे सामकार आत्मदहन करीत रावलीं
केल्या कार्या पूर्तिची, बाकी निशाण सोदीत रावलीं
म्हजे दोळे पळयत उल्ले, म्हजें काळीज पीळत उल्लें
परमळ केन्ना उडून गेलो, फुलां मळे सुकात गेले

आतां खंत कित्याक करूं, आतां दुशण कोणाक दिवूं
सूर्य लेगीत दुस्मान जाला, उजवाडा किर्ण खंय सोदूं

न्हीद म्हज्या दोळयांतली, उज्यावरी हुलपून गेली
माया म्हज्या मनांतली, फुगावांवरी फुलून आयली
म्हजे दोळे पळयत उल्ले, कात म्हजी झडत गेली
शक्त केन्ना अदृश्य जाली, धर्तरी लेगीत गळसून गेली

आतां कोणाक उलो मारचो, ताळो म्हजो सुकून गेलो
आयकुप्याच्या कानाचो, पड्डो आतांच फुटून गेलो

कोण भोगणार हे म्हजे, स्वंयच्या पापा पुण्याचे
जिवींतातल्या सत्याचे, कर्तव्य पडबिंबाचे
दोळे म्हजे पळयतात, दार सातवे सर्गाचें
पुण्याची रोयण जाली, घर जालें सोरपाचें .

म्हजी वळख

जिणेन म्हाका सगळें दिलें
म्हाका तें घेवंक कळूंक ना
वयलें वयलें सोदीत रावलो
पायां पोंदचें दिसूंक ना

म्हज्याच अवगुणांत घुसपून उल्लों
म्हाकाच व्हड म्हणीत रावलों
दुसऱ्यांक सदांच कमी लेखून
तांच्यो कुतो काडीत रावलो
संवसारान पळयली तांक म्हजी
पूण म्हाकाच हांव वळखूंक ना

तीख बुद्द देवान दिल्ली
उदरगतीची दारां उकती करून
वाटत रावलो बुद्दी लोकांक
नशिबाची दारां बंद करून
निर्शेवन देवांक दोश दिलो
पूण कुवतीक म्हजा वळखूंक ना

अितलो काळ फाटीं पडलो
रगतांत गरमी खंयच्यान येतली
राजू लासून गोबोर जालो
आस जिणेची पालोवन गेली
दोन्हीं दारां उकतीं आसलीं
पूण सर्गीचें दार दिसूंक ना

हताश मन

हताश निर्शेल्ल्या मनांतलें
रंगइल्लें सपन रंगच ना
पावळयो दुकांच्यो दोनी दोळयांत
व्हांवपाच्यो कशो थांबच ना

येतात आंवडे मायेदुखाचे
ओठांचो हुंबरो हुंपच ना
मारून काळीज लोखणा केलें
पाझर फुटपाचो रावच ना
नियतीचो खेळ जाणा जावन
खेळपाचो हांव सोडीच ना

शीमसंयम तुट्टा आतां
दुखाच्या त्या घायांचो
माया-विस्वास दिवनूय हांगा
करतात घात काळजाचो
ताळो सरांटून सांगत रावलो
आयकून कोणे घेवंकूच ना

म्हजें विसरून तुजें भोगलें
तरूय आशीर्वाद शापाचो
परक्या भावनांच्या मोलाखातीर
खून केलो म्हज्या सुखाचो
दिलो बळी म्हज्या आत्म्याचो
पूण तें कोणाक कळुकूंच ना

कळना आतां जगचें कशें
दिसता हेंच जिवीत म्हजें
दु:ख जेन्ना उकतें जाता
हांशे करतात लोक ताचें
धर्तरेन दिसता गोपात घेवचें
पूण तें कशेंच घडचेंच ना

याद तुजी

याद तुजी जाता तेन्ना, दुकां दोळ्यांत भरतात
कांठान कांठ भरून वता, काळीज व्हडें जाता ||धृ||

पयस घांट वाजता आशेची
कीण-कीण कानांत जाता
खोस दोळ्यांत उबी रावता
पूण अचकीत व्हांवन वता
कशें सांगू म्हज्या काळजाक
कित्याक उचांबळ जाता
कांठान कांठ . . . . ||1||

बंद दोळ्यांत तूंच दिसता
उकत्या नदरेंत तूंच येता
लाटो दुकांच्यो वाट काडीत
पापण्यो सारून येतात
पाट दुकांचे पोल्यावेले
तुवें पुसचे शे दिसतात
कांठान कांठ . . . . ||2||

न्हीद म्हज्या दोळ्यांची
चिंतेन उडून गेल्या
खोस म्हज्या सपनांची
सपनांत विरून गेल्या
जीण आज निरास कशी
सोशित घाय जगता
कांठान कांठ . . . . ||3||

प्रस्न

मनाक प्रस्न पडटा, कशें तें जगपाचें
आसपाचे दीस सुखाचे, पूण ते दिसता दुखाचे

माय जाळांत बंदिवान जावन आसा
कर्तव्य पालन करपाक आत्मो सांगात दिता
पळयता मुक्त जायत केन्ना,
तुटत काय पास मायेचे,
जर अशेंच उल्लें जाल्यार, कितें जातलें या जिवाचें
मनाक प्रस्न . . . . .

चंदनावरी झरत कळयाचें फूल जालें केन्ना
घडयतालो मुर्ती अखंड, सान आशिल्लो तेन्ना
फातरांचो पावस घालून मोल केल्लें ताचें
कसलें घातकी मन या मतलबी मनशांचे
मनाक प्रस्न . . . . .

जाणां हांव भिडेचे नाते हें मना विरूध्द आसा
जाणां हांव भोंवरे, पिशे जाल्यात म्हांवान म्हज्या
कर्तव्याक चुकत काय म्हणत निर्माल्य जालें
तत्वनिष्ठेच्या बंधनात म्हजें सगळें सपलें
मनाक प्रस्न . . . . .

यादीचें वजें

याद ती कशीच वचना
फाटल्या म्हज्या जिवीताची
परतून परतून जाग दिता
कशी ती देवा विसरपाची

सांगिल्लें म्हाका कांयच नाका
म्हज्या भोगणारार सोडून दी,
काळीज म्हजें काळीज न्हय,
फातर म्हूण जगूंक दी
याद ती . . . . .

दिल्लें उतर जातलो तुजो,
म्हूण कोणां जावंक पावंक ना,
हेंच दु:ख सलत उरतलें
विरहांत लेगीत मुक्ती ना
याद ती . . . . .

श्रावण म्हयनो दोळयांत म्हज्या
बीन काळजाचें समजूं कशें
यादीचें तुज्या, वजें माथ्यार
व्हांवत्या उदकांत सोडूं कशें
याद ती . . . . .

दोश

म्हज्या नशीबा, तूं कोणाक दोश दिता
म्हज्या नशिबाचो, हांव जावन आसा
म्हज्या नशीबा ||धृ||

उमेदीचीं कितली हांवे, फुलां फुलयलीं,
परमळान सगळीं, भुलून गेल्लीं
आतां ना गंध तो, फुलां खय तीं आसात
म्हज्या नशीबा ||1||

जेन्ना सुख आसलें, सगळे म्हजे आसले
जेन्ना दुख आयलें, म्हजे सोडून गेले
आतां खंत कसली, खंय कोण आसा
म्हज्या नशीबा ||2||

सुखाच्या म्होंवान, भोंवऱ्यानी म्होंव गान केलें
दुकांच्या हुंवारांत, तेच कुसां मारीत रावले
सुख दु:ख कसलें, सगळे भोग आसात
म्हज्या नशीबा ||3||

निमणी चीट

कितल्यो चिटयो बरयल्यो, जाप तुजी येतली म्हूण
निमणी चीट आयली तुजी, सव्यार तूं चडलां म्हूण

दीस म्हयने वर्सां सोंपली, प्रेमबंधनात आमी आसलीं,
घात असो जातलो हाची, काळजाक चिंता केन्ना नासली
अशाच उमेदीर जगत जगत मोगाचे अमृत पिल्लो हांव

गुन्याव म्हजो नासतना, खंय तूं अदृस जालें
दुखेस्त काळीज सतर-वतर थंयच्या थंय सपलें
जाण नाशिल्या दोळयांक, खाऱ्या उदकांत बुडयलें

सूर शेनायेचे येतात कानार, घायार घाय पडटात काळजार
जिणेंत चीट अेकूच बरयली, सपनांची मातयेभरवण केली
परतो असो नाका घात कोणाचो, पुनवेची उमास केली

विसरून वच

विसरून वच तूं, विसरून वच तूं
हांव कोण हें सोडून दी तूं, सोडून दी तूं
विसरून वच ||धृ||

काणी मोगाची केन्नाच सपली
जिणेची दोरी केन्नाच तुटली
तुटिल्ल्या जिवाक सोडून दी तूं, सोडून दी तूं
विसरून वच ||1||

दिसता वायट तें मोगा कर्माचें
दु:ख नाका तें ह्या सपिल्ल्या जिणेचें
सडिल्ल्या जिवा सोडून दी तूं, सोडून दी तूं
विसरून वच ||2||

नाका याद ती निमण्या वेळार
मरण तें येतलें खंयच्याय वेळार
सपिल्ल्या जिवा, सोडून दी तूं, सोडून दी तूं
विसरून वच ||2||

म्हजें रागणें

याद कर आतां तरी, कित्याक बेश्टो तिश्टायता
नाका आतां नकलाम्यो जिणेंत
कित्याक वेळ होगडायता

दिसतालें जिणेंत मळबांत उडचें
नखेत्रां मदीं वचून बसचें
उडपाक पाखटां तुवें दिली
आनी तुवेंच ती कापून व्हेलीं
याद कर . . . . . .

रगताचीं नातीं कितलीं दिलीं
कितलीं व्हेलीं, थोडीं उल्लीं
आस तांची दाखोवपी तूं
आनी ल्हवूच तांका व्हरपी तूं
याद कर . . . . . .

दितना तूं कंजूस जाता
व्हरतना साकानी भरून व्हरना
व्हरपाचें आसल्यार कित्याक दिता
आशेचीं सपनां बेठींच दाखयता
याद कर . . . . . .

भोगोस

कित्याक पयस रावता
मात्शें म्हग्यांत यो गो
तुजें रूप हांव नियाळटां
तुजोच मोग करतां

आमी पळयले कितले
चंद्रीम याच मळबांत
शियांच्या धुंवटात कितले
उमे घेतिल्ले काळखांत
अचकीत कितें हें घडलें
रागान पयस तूं गेलें
आनीक दाग नाका
मोगा राग तूं सोड गो
तुजें रूप . . . . .

यादी आमच्या मोगाच्यो
विसरूं कसो हांव आतां
कशें तूं रावतलें एकोडें
विसरून मोगाची गितां
म्हाका भोगोस गो आतां
अशें हें कितें सतायता
काळीज मोगा गो म्हजें
दुकांनी भरून येता



मनांतलें

तुकाच म्हूण सांगता म्हज्या मनांतलें
दु:ख तूं समजुवपी म्हज्या काळजांतलें
तुकाच . . . .

तूं म्हजो सूर्य, जिणेंतलो उजवाड
तूं म्हजो चंद्रिम आशेची शितळकाय
तूं म्हजें सपन केन्ना हांवे पळयिल्लें
तूं म्हजें सत, सदांच अणभविल्लें
तुकाच . . . .

कांटया वाट फुलां केली
देख जिणे दिल्ली
विखाचें अमृत करून तुवें
मात मरणार केल्ली,
कोण तूं, नातें कितें
पारखणें एक कशें
तरूय लेगीत सेवा म्हजी, नि:सुवार्थान केल्ली
तुकाच . . . .

नखलामी करपी सैम हें, मेल्ल्याक जिवें करता
संवसारा दर्यात बुडटल्याक, देगेर हाडून सोडटा
अशेच आशेर पडून रावचें तांतूतलें सुख सोदीत
तुज्या मायेच्या पाखांचेर उरिल्ले दीस मेजीत
तुकाच . . . .

"चे

विसर

म्हजो विसर पडपी मोगा, तुकाच तुजो विसर पडचो
म्हज्या प्रेमाचो खेळ करपी, नियतीन तसोच खेळ करचो

तुवें फुलचें बागेंतलें फूल, पूण पाना विणे झाड आसचें
आकार विकृत तुका मेळचो, ना रंग ना परमळा आसचें
निर्माल्य नष्ट ना जावन तुजें, लोकानी अशेंच माडोवन वचचें
म्हजो विसर . . . . . .

रडन तुका दिसलें तरी, दुकां तुजीं आटोवन वचचीं
याद जरी जाली जाल्यार, पिशांवरी ती भ्रमिष्ट जावची
म्हजो भोग बेठोच करपी, काणी म्हजी तुजीच जावची
म्हजो विसर . . . . . .

उरचो एकसुरो वाळवंट कसो, आसचो तानेल्लो सदांच मोगाचो
आपलो सोडून अनवळखी लेगीत, ना तुजे केन्ना सावळेंत पडचो
जिणेंत प्रेम केन्ना ना तें जावचें, ना सैमान तुका मुक्त करचो
म्हजो विसर . . . . . .

दिव्यांची माळ

दिवाळी दिवाळी दिवाळी दिवाळी
दिव्यांची माळ घेवन आयली
अधर्माची काळखी पुसून सगळी
सुखांची ल्हारां घेवन आयली

असुरांचो नाश केलो, पापांचो हुंवार आटयलो
धर्तरेचो शाप पयस केलो, नव्या सपनांचो सुर्य उ

पयस करात भंय काळजांतलो
निराशेचो आंवडो आतां तो कसलो
परमळाचें न्हाण करून आतां
विसरचो वायट काळ फाटलो

कारिटारूपी दानवांचो, नाश करून रांगोळ घालात
जैताच्या उजवाडांत सगळीं, आनंदाचें गायन करा

भेटयात परबी नव्या किर्णांची
आयल्या भरती आज सुखाची
नवो दीस हो नुतन वर्साचो
सर्दींच उरतली सया भांगराची

आयली दिवाळी

आयली, आयली दिवाळी आयली
सुख सर्गांतली परी आयली
आयली, आयली दिवाळी आयली
उजवाडाची किर्णां घेवन आयली
आयली ||धृ||

अधर्माचेर जैत मेळोवन आयज
दैत्यांचें राज्य सोपोवन आयज
रामराज्याची आस्पत सगळी
सगळया मनशांक वाटीत आयज
आयली ||1||

जोत दिवाळीची पेटली नेटान
लखलखल्यो धाही दिको उजवाडान
पेटयात दिवे येवकाराचे
फांकयात हांशें आयज खोशेचें
आयली ||2||

दिवाळीचें सुख वाटून घेयात
दिवाळीचें अमृत पिवन घेयात
मनातली काळसाण पुसून आतां
दिवाळीचें कवन गावन घेयात
आयली ||3||

उजवाडाची परब

परमळ परमळ उजवाड उजवाड
पापांतल्यान मुक्त, संवसार संवसार
उजवाड पुण्याचो धाही दिकांचेर
धर्तरिचो जालो, उध्दार, उध्दार
परमळ ||धृ||

नरकासुराचो वध करून
लक्ष्मीचें पूजन करून
भावाभयणीच्या पवित्र मोगान
काळीज कशें येता भरून
परमळ ||1||

पेटयात दिवे उमेदीचे
सारात साम्राज्य काळखाचें
दुकांचो हुंवार सोपोवन आयज
राज्य जालें सुखा ल्हारांचें
परमळ ||2||

आयज परब ही दिवाळीची
उजवाडाची, एकवटाची
ना ती खंयच्या जातीची
ना ती कोणा धर्माची
परमळ ||3||

जैताची वात

पेटल्यो वाती जैताच्यो
पेटल्यो वाती एकवटाच्यो
उठात आतां नमन करात
पेटल्यो वाती नव्या वर्साच्यो

परमळाचें न्हाण घेवन
कोडू काट्टें जिबेक लावन
शेण सारयिल्ल्या तुळशे आंगणांत
नव्या वर्साक नमन करून
    प्रार्थना करतात देवी–देवांच्यो
        पेटल्यो वाती . . . . .

रांगोळी सोभली दरवंटयार
आकाश दिवो हुबता मळबार
उमेदीन मन धोलता वाऱ्यार
उजवाडाची किर्णां घरा–घरार
    पेटल्यो पणटयो दिवाळेच्यो
        पेटल्यो वाती . . . . .



रडटा भूंय

रडटा भूंय रडटा भूंय
पापांच्या हुंवारांत व्हांवता भूंय
तिच्याच पुतांच्या घायानी
रक्ताळ जाल्या दु:खी भूंय

जाती धर्माचे वांटे घालून
जुगार मांडला मनशानी
पवित्र बलिदानांचे आयज
मातये मोल केलां भुरग्यांनी
भ्रष्टाचाराचो देंवचार भयंकर
वास करता काळजानी
– रडटा भूंय

पंजाबा पेटलां काश्मीर फुटलां
आसाम कित्याक म्हूण उठलां
कोण झगडटात कोण मरतात
गरीब जितेच हुलपतात
जिवा – जिवीं मरण दिलें तुमी
कशें पळोवं तें दोळयांनी
– रडटा भूंय

धर्तरी

धर्तरी धर्तरी पिकाळ धर्तरी
धर्तरी धर्तरी पूण्य म्हजी धर्तरी
मांयभूंय, जल्मभूंय, सैमान नटिल्ली धर्तरी ||धृ||

आवय ती राखण करपी, पालन करपी, अन्न दिवपी
फुलां, फळां, झाडां-पेडां, दर्या-न्हयो गोपान धरपी
भांय भूंय . . . ||1||

रूपें, भांगर, माणकां, मोतयां, शेतां, भाटां, शृंगार तिचो
जीव-जिवाळ, सुकणी-सवणी, रानां जनवरां आत्मो तिचो
भांयभूंय . . . ||2||

करात राखण करात पूजा आवयची या जल्मा घालपी
सर्गीचें सुख सगळयांक दिता, आमकां परत गोपांत घेता
भांय भूंय . . . ||3||

अयजयकार

भारत आमचो देश आसा
भारत आमचो प्राण आसा
राखण ताची करपाची, होच आमचो धर्म आसा
भारत देशाचो जयजयकार

साधू-संतांचें स्थान हें, शांतीचें देवूळ अमर हें
सैमाचें एक वरदान हें, सुखान भरिल्लें घर हें
सूर्याची गर्मी सदांक हांगा, चांन्यात रात फुलता हांगा
पावसाच्या थेंब्यानी खेळ खेळत, शितळ वारें व्हांवता हांगा
भारत देशाचो . . .

चलात सोपूत घेवंया आमी, देशाचो एकवट दवरपाचो
एका मेकांच्या खऱ्या मोगान, दुस्मानांचो नाश करपाचो
सुखाची पिराय आमी वाडयतले
दुकांची पिराय आमी घटयतले
अशी देशाची रचना करतले
सर्गाकय दुस्वास करपाक लायतले
भारत देशाचो . . .

राखण

आमी मुखार सरतले, आमी मोगान चलव्रले
झेंडो देशाचो सकयल दवरचे नात,
स्वातंत्र्याची राखण करतले

रगताची गर्मी उज्यावरी, काळजांत भितर धगधगता
देशाच्या दुस्मानांचो लासून गोबोर करूंक सोदता
देशाचे कुडके जावंक दिवचे नात
स्वातंत्र्याची . . .

आमची स्फूर्त विरांची, शक्ती आसा तलवारीची
एकाच गर्जनेन पुराय धर्तरी हालोवपाची
देशाची मान बागोवंक दिवचे ना
स्वातंत्र्याची . . .

भारत हो सर्ग सो, संवसाराचो मान तो
गर्व आमकां हाचो सदांच, हो देश आमचो जीव सो
देशाक सदांच अमर दवरतले
स्वातंत्र्याची . . .

भारत ध्वज

भारत देशाचो झेंडो आयज
मळबांत रंग भरीत आसा
भारत देशाचें चिन्न तें, एकवटीचें प्रतीक तें

राखण ताची करूंक जाय
मान ताचो दवरूंक जाय
हुतात्म्यांच्या बलिदानाची
याद आमी दवरूंक जाय
भारत . . . .

गूण ताचे तीन रंगाचे
शुरांचे, शांतिचे, पाचवेचाराचे
चक्र मर्दी उदरगतीचें,
भारतीयांच्या मनीसपणांचे
भारत . . . .

आयज गर्वान उबो आसा
शांतिचो संदेश दीत आसा
गरीब–गिरेस्त, मोडके, दुखी
एकचारान मुळांत आसात सुखी
भारत . . . .

अमर भूंय

भारत भूंय आमची सांभाळात,
याद ती तुमका दिता, उलो तुमका मारता
तुमी खांबे तीचे, तुमी राखणे तीचे

पळयता तुमी, वायट कर्म करतात
तिजेच पूत दुस्मान जातात
रगत व्हांवोवन सगळे पेटोवन मनशां पेडां
थय थय करून नाचतात
भारत . . . . . .

जल्मा आयले हांगा, जायते पूत व्हडले
सुखां सगळीं दिवन, सोपून गेले
याद तांची येतांच, दु:ख काळजाक जाता
दोळे दुखानी भरतात
भारत . . . . . .

रावचें एकठांय तुमी, झूजचें नेटान तुमी
संवसाराक सगळया दाखोवन दिवचें तुमी
राखतां राखतां ही भूंय जीव ओंपोवन
अमर जावन रावात
भारत . . . . . .



सोपूत

सोपूत आमी सगळीं घेतात
देशाची राखण करपाची
कुडीचें बलिदान करून आमी
अमर जावन रावपाची

पवित्र भूंय ही भांगराची
संतांची, शांतेची
शूरविरांच्या रगताची,
हुतात्म्यांच्या बलिदानांची
मान तांचो दवरूंक जाय
याद तांची करूंक जाय
देशाच्या अखंड एकवटेचें
उतर आमी दिवंक जाय

उदरगत देशाची जायत आसा
संवसारांत नांव मेळत आसा
दुस्मान सगळे जळत आसा
भारत सर्ग जायत आसा
काळीज पाषाणाचें करून
सुवार्थी मनशां नाश करून
दुस्मानांची पाळां खणून
देशाचें नंदनवन करूंक जाय .

नंदनवन

देश आसा हो आमचे कष्टांचो
बलिदान दिवन राखपाचो
उल्याक ताच्या आमी पावंक जाय
बलिदानाचो हावेस बाळगूंक जाय

कितले हांगा हुतात्मे जाले
रगताचे व्हाळ कितले व्हांवले
त्याग बलिदान करून ताणी
मांयभूयेंत अमर जाले
उगडास आमी तांचो करपाचो
मान तांका आमी दिवपाचो ||1||

सोबीत आमचो देश हो
विद्‌वानांचो म्हान संतांचो
कितल्यो जाती, कितले धर्म
सोपून घेवंया एकवटाचो
मान आमी ताचो दवरूंया
राखण आमी ताची करूंया ||2||

आतंकवादी कशे येतात
देशाचें कितलें नुकसान करतात
दाळा तांका लावून सगळयांक
निर्भयान एकठांय जावंया
प्रत्येक भारतीयांचे कर्तव्य हें
देशाचें नंदनवन करपाचें ॥३॥

आयज गायात

आयज गायात, आयज हांसात
आनंदान तुमी नाचात
देश आमचो मुक्त जालो सर्ग सुखाची परब मनयात

पूण्य भूंयचो देश हो, राम कृष्ण बुध्दांचो
शूरविरांचो देश हो, शिव, झाँशी, प्रतापांचो
म्हात्मा नेहरू, शास्त्रींचो, सुभाष, गेनू, भगतसिंगांचो
आयज गायात ‖ 1 ‖

एका पाळण्यात सगळे धर्म, बाळकांवरी खोशेन रावतात
वायट नदर पडत जाल्यार, सगळे भारतीय एकठांय जातात
देशांत अपूष देश, भारत हो जावन आसा
आयज गायात ‖ 2 ‖

स्वातंत्र्याच्या संग्रामांत, अमर कितले जावन गेले
रगताच्यो न्हंयो व्हांवन, तिरंगी ध्वज घेवन आयले
याद तांची करून आतां, हात जोडून नमन करात
आयज गायात ‖ 3 ‖

भिजूड

याद येतांच तुजी, काळीज उचांबळ जाता
कितें करचें समजना, दोळे दुखानी भरतात
उतरां तुर्जी म्हज्या, काळजांत सदांच उरतलीं
जाय तेन्ना तीं म्हाका, थाकाय जिवाक दितलीं

मोग तूं म्हजो करतालें, पूण म्हाका ते कशें कळूंक ना
पिशांवरी तूं येतालें, काळीज तुजें वळखूंक ना
जेन्ना मोग काळजांत किल्ललो
तूं तशें उरूंक ना,
दिसता अन्याय केलो हांवे,
भावनां कदर करूंक ना

नशीब फुटको म्हजो हांव
मनीस पूण काळीज नाशिल्लो
खेळणें कशें समजून तुका
काणयोच तुज्यो आयकल्यो
कितलो विस्वास तुजो आसलो
सगळेंच म्हाका दिवपाचो
समाज-प्रतिष्ठा नाटक करून
घेतलो निर्णय पयस रावपाचो

कोवीत तुजें मेळळें तेन्ना, अचळय काळजाक दु:ख जालें
उमाळयांत वाचलें मोन्यानी, दुकांचे कशें तळें जालें,
इत्साविणे सपन तुका, अणभोवंक कशें लायलें
भिजूड सभावान म्हज्या, जिवीतांत रडूंक दवल्लें

म्हानदेश

देश म्हजो म्हान, देश म्हजो म्हान
चोंयवशींनी लूट मारून पडला सद्या घाण

ते आयले ताणीं लुटलें, जाती-धर्माचें बीं रोयलें
भांगरातांतयां कोंबी व्हेली, धर्म-स्थळांचें भंजन केलें

आतां भूंय पुतानी देश हातांत घेतलो
पासष्ट वर्सां भितर काबार असो केलो
फिरंगांच्या पावलार पावल दवरून आपणालो सुवार्थ पुराय सा

जाती धर्माची दुकानां घालीं, आम जनतेक सपना दाखयलीं
तांच्याच मतांनी सत्ता भोगून, तांच्यात तोंडांक पानां पुसली

भ्रष्टाचाराची सर्त दवल्ली पक्षा पक्षानीं झोपडपट्टी निर्मिली
कायद्यान तशेंच बळान ताणी आपणालीच पोटली भरून दवरल

देशाची म्हारगाय आसमंता तेंकल्या, कोण भागयतलो उदकान
पावला पावला भ्रष्टाचाराचें होमखांड, हजारानी बाळकां मरता

म्हणटा देश म्हान, कसो तो म्हान,
भूंय गर्भातलीं द्रव्या चोरून, गळयांत हाडला प्राण,
उदर गतीच्या नावान आरक्षणां धर्मा-जातींची
अंगुठा छाप विद्‌वान, हाडां पिसुडटात गरीबांचीं

“

असा देशाचे नागरीक म्हणटना, याद जाता म्हान त्यागाची
सर्वस्वाचें बलिदान करून पेटयली जोत स्वातंञ्याची
नेटान बांदल्यांत स्मारकां तांची, तांचेच कुस्तार कुबेर जाल्यात
बाबडे कावळे बासून तांचेर, धवे करून गेल्यात .

भारत देश

भारत देश आमचो इंद्रधणू कसो
तरतरां जातींचो, तरातरां धर्मांचो
जय भारत, जय भारत, जय भारत, जय भारत

भारत देश आमचो सुखाचो सर्ग कसो
आसा शूर विरांचो, आसा साधू - संतांचो
जय भारत, जय भारत, जय भारत, जय भारत

प्रत्येक नर शिवाजीचो अवतार प्रत्येक नारी झाँशीची तलवार
आंगात बळ्ळया प्रतापाची शक्ती
तोंडार आसता गांधीची शांती
ओ ऽऽऽ लालाला, ओ ऽऽऽ लालाला
भारत देश आमचो

उत्तरेक हिमालय रक्षण करता, दक्षिणेक संगामाचें तीर्थ मेळट,
पूर्वेक बंगालच्या ल्हारां वांगडा
पश्चीमेक व्हडी भोंवर मारतात
ओ ऽऽऽ लालाला, ओ ऽऽऽ लालाला
भारत देश आमचो

“चौ

आमी भारतीय सगळे एक हुतात्म्यांची आमी घेता देख
देशाचे रक्षण करतले आमी
स्वातंत्र्याची ज्योत तेंवयतले आमी
ओ ऽऽऽ लालाला, ओ ऽऽऽ लालाला

भारत देश आमचो

निरोप

निरोप घेवचो वेळ आयलो
भक्ती भावाचो अस्त जालो ||धृ||

सूर्य दर्शनान देवाक आळयिल्लो
मागण्यांचो मेरू अंतस्करणांत दवरिल्लो
गंध फुलांनी, मंत्र घोषानी
तुस्त फुलांचो हुंवार हाडलो
निरोप ||1||
वर्सावळीचें कार्य हें आमचें
धा जाणानी येऊन स्मरपाचें
पातकां आसत, वा नासत आमचीं
पूण तुवेनूच करप राखण गांवची
निरोप ||2||
जाती–काती ना कसलें बंधन
मनीस धर्माचें अमृत–भंथन
करून घेवची नित्य अशी सेवा
आमी पामर सेवक, राख रे देवा .
निरोप ||3||

भांगरा भूंय!

एक आशिल्ली भांगरा भूंय, भगवान परशुरामान निर्मिल्ली
शिवालयां, गाभारे, कळसां, देवळां, पवीत्र तळीनी भरिल्ली

शांत सैमिक भांगराभूंय, सर्गाविलो जुवो कसो
धालो, फुगडयो, शिगमो गावन, चलयताले आपणालो वसो

एक दीस पडलें पावल अळशीक! धवें, कोड जाल्ल्या मनशांचें
जाती, काती, धर्माचेर घाले, कुडके केले भुंयेचे
साडे चारशें वर्सां राज्य केलें, अत्याचार करून भूंय पुतांचेर
थळावी संस्कृती नश्ट करून, पिकयलें पीक आपणा धर्माचें

धालो, फुगडयो सोपोवन, देखणी, कुरूदीन हाडलें
शिगम्याचो बळी दिवन, कार्नावालाक जल्मा घालें
प्रत्येक मळार नियंत्रण, कायदे लावन थळावी भास सपयली
आपलीच भास व्हडली थारावन, भूंयपुतां ताळयांत रिगयली

बोजारून स्वातंञ्य सैनिक, हुतात्मे एकठांय आयले
धवे पावलांचे शासनाचो निशेध करूंक लागले
राज्य कर्त्यानी पिस्तुला बळार, दायज संस्कृती सपयली
देव-देवळां नश्ट करून, पवित्रता बाटयली

गावां गावांनी गाजपी घांटो, पावल्यो उंचेल्या दोंगरानी
धव्या घुमटेंतल्यान वाजत नेटान, संदेश पावलो घरां घरांनी
अत्याचारान त्यांच्या, भूंयेचे पूत सासपून पडले
परराज्यांनी आलाशिरो घेवन, संवसार करीत रावले

सांभाळ्ळी संस्कृती-भास आपापणाल्या घरानी
फुडाराची वाट पळयली, पिळग्यानी,
हक्का खातीर, न्यायाखातीर, भूंयपुतांचेर आयलें चेपण
माल्लो उलो देव-देवतांक, करूंक आपणाली राखण

निर्मिली शक्त परत एक फावट, जल्मदात्या परशुरामाची
सपयली राजवट धव्यांची, साडेचारशें वर्सा पयलीची
ते गेले, पूण निसंतान करून, पिलावळ फांटल्यान दवरली
पन्नास वर्सांनी जातीर गेली, परत अचकीत खुबळ्ळी

भास, संस्कृती सोपोवंक, परत एकठांय ती आयली
विस्वास घातान तांच्या, भांगरा भूंय अपवित्र जाली
परत एक फावट तिका धव्या कोडांची मुर्ती दिसली
पूण मुर्तीचे सावळेंत भूंयपुतांची रूपां दिसलीं

कांय भूंयपूतानी राखिल्ली भूंय, हेरानी पोखरून खाली,
आपापणाल्या पिळग्यांखातीर माया अमाप जमयली
परत संकट उबें जालां, मोडून शिमो कायद्याच्यो
तांचे परस वीट आयलो आपणां पुतां करण्यांचो

बाभ, शंकर, मनून रचलीं स्वातंत्र्याचीं कवनां
जागयले भूयपुतांक, निर्मिली फुडाराचीं सपनां
तीच वेळ परती हाडल्या, आमचे भ्रश्ट भावानी,
ल्हेंवतात परत धर्वी पावलां, लाचार जावन जिबानी

भांगराभूंय मातये भरवण जाल्या, सत्तेचो माज मस्तका माल्ला
खरेंच कास्ताचो दिपाजी जर दाखयात सत्तेचो अंत जाला,
संद परत ही मेळची ना, उदरगत भूंये जावची ना,
बलिदान जर दिवचें पडलें, आतां फांटी कोण रावचे ना .

रावता अंता (भैरवी)

आतां ना कसली चिंता रे ऽऽऽ
आतां ना कसली खंता
कूडच ही जीर्ण जाल्या
रावता हांव म्हज्या अंता, रावता हांव म्हज्या अंता ||धृ||

जिवीत भर सेवा केली, केली
मागून मागून जीब झल्ली
ना ती दृष्ट तुज्या कृपेची
ना ती तुजी प्रिता
. . . रावता हांव . . . ||1||
सपन सुखा नित्य पळयलें, पळयलें
दुकांनी तुजे पांय धुले
ना तो तुका पाझर फुटलो
लायलो कसो म्हाका पंता
. . . रावता हांव . . . ||2||
जीण यातनो सपतां, सपतां
ना तें दुशण कोणाक नाथा
भीक निमणी घाल या हातां
आत्या कर रे मुक्ता
. . . रावता हांव . . . ||3||

आरती-परती

म्हजी देशाची धरती, एक पांय वरती
सगळी आरती परती,
म्हजी देशाची धरती

साधू-संतांची पवीत्र धरती
देव देवतांची पावन धरती
स्वातंत्र्य विरांच्या बलिदानाची
हुतात्म्यांच्या रगतान माखिल्ली धरती
म्हजी देशाची धरती

परके सत्तेंतल्यान मुक्त धरती
जात, कात, रंग, धर्म नाशिल्ली धरती,
न्हयो, दोंगर, वझरे, शेतांची धरती
दरएकल्याच्या उल्याक पावपी धरती
म्हजी देशाची धरती

ब्रिटीश-पुर्तुगालाक बुद्द शिकोवपी
चीन-पाकिस्तानाक सपोवन उडोवपी
भूकंप, हुंवार, वादळ पचोवपी
उदरगतीच्या तेंगशेर पावपी धरती
म्हजी देशाची धरती



वांटे घालपी पूत या धरती
सुवार्थ संतुष्टान जगपी या धरती
आवय म्हणत पावणेर काडपी धरती
आपणा–परक्यांचो खून करपी या धरती
म्हजी देशाची धरती

कोटी कोटी जनता या धरती
आपापसांत झगडून समाधान मानपी
दुस्मान–आतंकवादी संद पळोवपी
आमचेंच रगत तांका मार्गदर्शन करपी
म्हजी देशाची धरती

धर्मा–जातींची नखलामी करपी
म्होवाळ उतरानी अचकीत गळो कापपी
दिसा उजवाडा अत्याचार करपी
आनी भिजूड जनता 'आ' करून पळोवपी
म्हजी देशाची धरती

आज राखणे तिचे अदृश्य जाल्यात
देवां परस दानव चड जल्मल्यात
खंय ती सीता, खंय ती द्रौपदी, अनुसया म्हासती
राजकारणी, फुडारीच विधवा करपी या धरती
म्हजी देशाची धरती .

“

गोंया रे गोंया ऽऽऽ !

गोंया रे गोंया तुजेर घाये कोणे घाले
म्होंवावरी काळीज तुजें विखाळ कोणे केलें

कितल्यो राजवटी आयल्यो, राज्य ताणी केलें
पोर्तुगेज लेगीत निमणे, हताश जावन गेले

केन्ना घडूंक ना असलें, कर्म हांगा घडलें
सावड्डें-कुडचडें रे कित्याक पेटून उठलें?

भावाभावांचें गोंय अशें, अमर जावन आसलें
कोणा पातक्या नदरेन तें एकाच घायान सपलें

नासली खबर आमका केन्ना, धर्म-जात कातीची
देवळां-इगर्जा-मसजीदीक, गरज नासली वंयेची

हांव कोण, तूं कोण, प्रस्न केन्ना आयलोना
एकाच रातीं दुस्वासाचो, देंवचार केन्ना पळोवंकना

परशुरामाची भूंय ही, पवीत्र देवा-देवतांची
दर्या-न्हयां शेतांची, पाचवे चार दोंगरांची

फळां, फुलां, अन्न, उणें केन्नाच जावंकना
दारांत आयिल्लो अश्रीत, उपाशीं केन्ना वचूंकना

इतिहास व्हड गोंया तुजो, भारता भांगरा तिकळी तूं
विस्वासाचें उगतें दार, देसा मेरूमणी तूं

भाग्यवंत गोंयकार आमी दुश्ट आस्त आसची न्हय
सर्गाचोच जुवो हो पातकी मानसिकता दवरची न्हय

पातकां केल्यार भूंयेर या, केन्ना कोणा पचचीं नात
आमीच गोंय राखूंक जाय, ना जाल्यार गोंयकार आमीं उरचे

रगताची होळी . . . !

अरे! रगाताची होळी खेळप्यानो
तुमचें मनीसपण साप्पा मेलां?
कोणाक तुमी मारतात?
जशें की, धर्मान तुमका हेंच शिकयलां

अरे! ही धर्तरी सगळयांची
तिची राखण करपाक आमकां धाडल्यात
तेंच कर्तव्य सोडून तुमी सगळे
मनीस जातीक मारूंक लागल्यात?

देवान निर्मिल्ले पृश्वीचेर फकत
तुमचेंच राज्य चलतलें?
जाल्यार सुनामी, भूंयकाप, ज्वालामुखी
तुमी सगळे कशें पचयतले?

आतां राग तुमचो कोणाचेर आनी
मारपाचो हक तुमका कोणे दिलो?
इतले तुमी शक्तीवान, बुदवंत जाल्यार
दाखयात वादळ, हुंवार आडावन सगळे
दीस सदांच सारकेच आसनात
सुकती-भरती आसता केन्ना
अंत हो प्रत्येकाक आसताच
पूण, ते ते वेळार तें तें घडटा!



बॉम फोडटात, आपूण मरतात, दुसऱ्यांक मारतात
कित्याक हो रक्त-मांसा खेव?
कोणाक मारतात तें तुमी जाणात व्हय?
अरे! मरतात अजाण भुरगीं, बायलो, गरीब कामगार,
दीसभर वावर करून संवसार चलोवपी
जांचेर पुराय कुटुंबाची आसता जबाबदारी
हेंच तुमचें सामाजीक प्रेम? धार्मिक प्रेम?
आज तूं म्हाका मारता, फाल्यां तुका कोणूच मारचो ना?
मारून मारून धर्तरी जातली विधवा
जिका वाली कोणूच उरचो ना!

जगतात हांगा जीव, जिवाळ, वनस्पत
सुकणी, सावजां, पुराय सैम,
वारें, उदक, उजवाड,
सगळे आपापणाल्यो जबाबदारी
सांभाळून वावूरतात आनी
आमीच मनीस अशे कशे रे? फातरा काळजाचे?
हेच खातीर जल्माक आयल्यात?
जांका देवांचो भंय ना, ते कितेंय करूं शकतात?
तशें जाल्यार रावतात आनीक कोणाक?
करात संव्हार सगळयांचो, चाचायात,

आनी नाचात तातूंत रगत-मासांत
थयथय करून खे।यावरी!
रावात आनंदान पिवन रगत न्हयेचें
शेंवटिल्ल्या कुडींच्या अवयवांचेर
आनी करात राज्य तांचेर, जैतिवंत जाले म्हूण!

खुन, बलत्कार, मारामरी, फटिंगपणा, वसवस,
कुडीचें सुख, कौमार्याचो भंग करून लासप,
अपहरण, मारप, कुडके करप, ते खातीर
फितुरी, लाच, दलाली करून अत्याचार करप?
अरे! हेच खातीर, संतान, देवान, धर्मान सांगलां?
कोणाची आसा ही नीती?
अशें आसा जाल्यार सैमाक उग्र रूप धारण
करचें पडटलें,
उद्रेक, क्रांती, चळवळ, बंद जाली ना जाल्यार
येतलो हुंवार, भूंयकाप, सुनामी, वादळ, दुकळ, रोग
आनी बंद जातलीं दारां उपायांची
मरतली मनीस जात, फडफडून, तळमळून,
हाय हाय पडटली!
सपतलीं दोन पायंची जनवरां, उपरांत
सगळें कितें शांत आनी नितळ!
फक्त उरतले सैमाचे राखणदार
पूण, सोडून आमी!!!

सरणावेलें सपन

सरणाचेर, निमण्या खिणाक याद जाता
आनी बसतां हांव उठून!
पळयत जाल्यार, विधी सगळयो जाल्यात,
फक्त अग्नीन वेंगेंत घेवपाचें आसलें,
आवयचे उपरांत दुसरी वेंग ही!

पेत्रोला डबो, टायर, आंब्या जिर्ती लाकडां,
शेणी, सुकी-ओली,
चंदनाचें लाकूड? आसत तातूंत!
तीन बडयांचेर मातये कुळणें
शेर्णीचो धुंवोर ओकतालो
मेल्ल्या फांटल्यान संवसार चलोवपी
उदका मातये बुराकाचो बुडकुलो घेवन,
सरणाक प्रदक्षणा घालता, घालता,
उडयता, फोडट्टा
जिणेतली पयली आनी निमणी प्रदक्षणा!

विधी केन्नाच्यो सोपोवन बेगीन
घरा वचपाची वाट पळोवपी पुरोहीत
जाका गांवच्या सत्यनारायणाच्या
पुजेची चिंता आनी दक्षणा!

लोकय जमल्यात, रगताचे, नात्यांतले, सोयरे, इश्ट,
बरे मागपी, शेजारी, उपकार केल्ले,
देणेकार, भाटकार, मुंडकार, बेबदे
आनी दुस्मान!

पळोवन अजाप दिसलें
इतले सगळे जमतात तर! विसरून सगळे भेदभाव
दर एका खुमणाचेर, वेगवेगळे हावभाव,
दु:खाचे, समाधानाचे, तिडकीचे, आनंदाचे,
मुक्ततायेचे!
तशींच साक्षात्कारांची दुकां, मुद्दाम काडिल्लीं दुकां,
उमाळयान आयिल्लीं वा मानग्यावरी?

एका कोनशार,
निर्माल्य जाल्लीं फुलां, हार, तुरे,
कसतात, निमणो परमळा स्वास घेवन,
कित्याक आपणांक मसंडींत हाडल्यांत?
तिष्ठताले उजवात्यां पुडे,
आत्मदहन करपाक, सांगात दिवपाक,
निर्जिव मडयाक!

पेटयलो एखदाचो अग्नी कोलती घेवन
घराब्याच्या दिवटयान, विधी, शास्त्रां सपलीं.
निमाणी प्रत्येकान उजवात, लाकडां कुडके अर्पिले
जशी जिणेंतली निमणी भेटवस्त,
आनी परतले दोन पावलां, पावोवपाक आयिले,
उल्ले धाडसी चार जाण सोरो पिवन.

रातभर कूड अनंतात विलीन झाली
आनी राखेच्या रूपांत दिसली.
हीच ती निशाणी या कुडीची,
कर्तृत्वाची, इतिहासाची, गिन्यानाची, सेवेची,
स्वाभिमानाची, सत्कार्याची, सर्वस्वत्यागाची,
ताची जिणेत जाल्ल्या भोगणारांची!
आनी
नाखटां झरोवन उबो केल्ल्या संवसाराची?

पळोवन म्हाका म्हजोच हांसो आयलो
आनी चिंतलें, कितें मोल ह्या धर्तरिचें?
आनी ह्या धर्तरेर जल्मल्ल्या मनशांचें?
कश्टान, सत्यान, कपटान, नागोवन, फटोवन सर्स्वस्व उबें करप
आनी हे खातीर हात आवळून येवप, हात सोडून वचप!

यादीन म्हज्या एक पुतळो उबो करप
मनाविरूध्द! प्रेमान काय याद म्हूण?

निमाणी कावळयानी तो धवो करप!
शी, शी, शी, तशें जाल्यार नाकाच
हो पुनरजल्म, हो मनीस जल्म!!!



सत्री

पावस आयलो म्हणटकच, सत्री!
हय, सत्री.
सत्री म्हळयार, आतांची मॉडर्न.
'टीक, टॉक, टॅक' उगती जाता
आनी नेटाचो पावस, वारो म्हणटकच
'टॉक' जाता. दांडो हातांत उरता, वयलें हुबून वता!!!
पूण
पन्नास वर्सां पयलीची कांबळ?
हय, याद आसा
उदक लागना, वारो लागना, ना थंडी.
आनी तेन्नाची सत्री?
याद आसा?
हय लाकडा दांडयाची घटमूट!
केदोय पावस-वारो आसूं,
दांडो मोडपाचो ना, तेन्ना जाणटेल्यांचो आदार आशिल्ली
आताची सत्री नाजूक, पावसा भशेन!
तशी ती पावसाखातीर?
आसत. पूण म्हाका दिसता,
पावसा परस हेर कामाकूय तिचो उपेग जाता.
कसो?
सामकें सोपें. विस्वास बसना?

आरे, कोणूय कोणाक देणो आसत, वाटेर मेळत,
सत्री वाकडी कर, तोंड लिपय, मार कूस!
वाऽऽऽ
दोन काळजां मोगांत आनी सत्री एक, उटंगराचो पावस!
म्हणटकच मोग पिकता! उचांबळ जाता!!
कोणी पळयत? घरची दिसत? ना भंय.
तेन्ना, सत्री की जयऽऽऽ. फुलय आनी लिपय!
वा! वा!
फोंडफुलांचो रस्तो, तांबडो रेबो, ट्रक येता–वता,
तांबडी होळी, वापर सत्री, सत्री तांबडी, कपडे निवळ
लाग वाटेक. आसा किते त्रास?
तें कित्याक?
सैमिक विधीक लेगीत?
हय, दोळे धापून कर. अशें सगळयाक, सर्रास चलता.
वा! वा! वा!
हें जालें बारीक, हलक्या कामाविशीं
आनीक कितें?
आनीक आसा.सुणो आंगार आयलो?
दाखय सत्री,
‘रोमियो’ फकांडां करता?
बडय सत्रेन, ते नेटार उग्र जा.

दाखय भिरांत सत्रेची, कामां करून घे, ओर्राद चलत राव
वारे वा!!!
तशी सत्री 'भेंट' म्हूण दिवपाक जाता
भिजतल्याक तर तूं उपकारांत दवरता
फटोवप, मारप, भिवोवप, मोग करप, उपकारांत दवरप,
हें सगळें सत्रेंतल्यान शिकूंक मेळटा.
ना जाल्यार, धाकटुलीं भुरगीं,
पावस आयलो की भिजिल्लींच दिसतात
कशें? जाणात तुमी?
कारण सत्री तांच्या तकलेवयर आसच ना!
तीं सत्रे बांगडा खेळटात, नाचतात, हांसतात,
गायतात आनी सत्री परतोवन घरा येतात रडटात!
म्हणटा, सत्री मोडली!!!
वारे वा, वा!!!
इतलें सगळें आसून लेगीत
सत्रेचो रंग काळोच
कारण
काळया रंगात, सगळे रंग भरिल्ले आसतात, लिपिल्लें आसता
म्हणटकच घेतात नी तुमी सत्री?
जीवन संगिनी ती!!!

तुज्या दारांत (कोंकणी कव्वाली)

तुज्या दारांत हांव भीक मागतां, निरास म्हाका तूं करचो ना
मनीस मनशाक जीतो मारता (2) हांव हें जावंक दिवचो ना ||धृ||

तूंच घडयता, तूंच मोडटा, तूंच दिता, तूंच व्हरता,
तूंच आशा, तूंच निराशा, जल्म-मरण तूंच खेळटा
न्यायान तुज्या संवसार चलता, कित्याक मनीस, अन्याय करता
तुज्या या, मनशांक, सत्याची, बुद्द केन्ना तूं दितलो रेऽऽऽ
मनीस मनशाक . . . . . ||1||

हिंदू-किरीस्तांव, भाव मुसलमान, मान सगळंयाचो, पयलो तुका
ईश्वर, जिजस, अल्ला नावां, तुजीच सगळीं आसात रूपां
मनीस तुवें जल्मा घालून, सेवा तुजी ते करता मागून
कोण पुजता, कोण गायता, भाथ्यार घेवन, कोण नाचता
कित्याक हें बुदवंत, गाणे गायत, जमनीर तुका आपटिता रेऽऽऽ
मनीस मनशाक . . . . . ||2||

तूंच आमचो, विश्वकर्मा, वांटे कशे ते घालता धर्मा
पापांचो हांगा, हुंवार आयला, अस्तुरेचो मान सपला,
देवांक हांगा पावणेर काडटात, देवळांची दारां कित्याक फोडटात
मनीसपणाचो खून जाला, कित्याक तुवें तीसरो, दोळो धांपला,
संवसाराचो न्याय करपी तूं, पापांचो गोबोर केन्ना करता रेऽऽऽ
मनीस मनशाक . . . . . ||3||

शीम सोंपली, सोंसणुकेची, जिणेची आतां आस ना ती
राम हांगा नश्ट जाला, रावणाचो उगतो खेव चल्ला
निमणो तुका हांव सादूर करतां, विचारतां नर्क हो, केन्ना सोंपयता,
जाप ती म्हाका, दिवची आतां, विस्वाचो तूंच रे राखण दाता
ना जाल्यार तुज्या पावलांचेर, तकली मारून जीण म्हजी सपयता रेऽऽ
मनीस मनशाक . . . . ||4||

तुटिल्ले घुंगरू (मुजरो)

जशी आयली म्हाका तुजी याद,
काळीज कशें थरथरलें
आनी घुंगरू तुटून पडले

दरबार म्हजो उगतो सगळयांक
शृंगार म्हालाचो मोग सगळयांक
रसरसपी कुडीवेल्या वस्तींपरस
धव्या कातीची रूच सगळयांक
हांव जरूय तुजें नासलें तरूच तुवें
म्हाका तुजें मानलें, आनी घुंगरू तुटून पडले ||1||

येवप सगळयांचे एकाच भशेन
दुडवांची रास शेंवटीता वेगळे नशेन
तुहूंय येवन बसता आपले भशेन
पूण नदर ओली तुजी पळोवन म्हजे दशेन
जाणां अजुनूय प्रेम तुज्या काळजातलें
स्मरण म्हाका जाता सगळें आनी घुंगरू तुटून पडले ||2||

मोनेळ तुज्या ओंठांचेर, दिसता शब्दवेल करपली
तूं कला प्रेमी, संगीत प्रेमी, पूण वाटूच हरपली
विरोधाक विरोध करून लडाय तेन्ना केल्ली
पूण हांवेनूच हतयारां जमनीर दवरलेलीं
म्हज्या चुकीचें प्रायश्चीत तुवें घेतलें
भोगूंक तें हावें हें कर्म आनी घुंगरू तुटून पडले ||३||

मनरीजवण (मुजरो)

मोग पिशें लागिल्ल्यांक विचारूं नाकात
जातकच रात येता कसलो आकांत तांचेर
एकोडेपणान वेळ पासार करतना
दिसतात घाय जातात काळणाचेर

मोग पिशांक आसता मोगाचोच आदार
ते बगर तांका आसना कसलीच माया
दर खिणाक करत आसतात कागाळ मोगाची
पूण कोणाकच तांचे खातीर येना ती दया ||धृ||

अरे तुकाच सलाम म्हज्या काळाजा .
मात्सो सांग मोग म्हजो आसा म्हूण तुका
निदान फटकीच्या मोगाचें दी उतर राजा
पिश्या काळजाक धोको दिवपाक लायनाका

तूं आयकतलो जाल्यार, सांगू ते राती खबर
चंद्रिम मळबांत उफेवन जुवान पणान भरिल्लो
काळजांत मोड आयिल्लें, नवें सपन जल्मल्लें
सपन लेगीत तरणे पणात भरून ओत्तालें

अकस्मात काळें कूप नाचत गेलें, नाचत गेलें
पुराय चंद्रिमाचें तेज काडीत गेलें
रूप चंद्रिमाचें तातूंत विरून गेलें



चिंतलें अरे हें पिशेंपण घडटा तें कसलें
आवयस! धडधडलें काळीज आनी जागें जालें
सोदूंक लागलें मोग्याची नदर करूंक आपलें

ताचें फुडलें तूं आयकता घडिल्लें?
आयकून सगळें तुजें काळीज बेठें रडटलें
गूट काळजांतलो काळजांत दवरिल्लो आसा
पूण दिसता, ओंठ पिंजून तो भायर सरता
तूं जाणां हांव शेणिल्ली अस्तुरी मोग पिशी
देवदूत जावन सांभाळटलो मानून आपली कशी
म्हूण त्यागून सगळें वादळ जावन आयिल्लें
दी आतां वखद ना जाल्यार वीख म्हणिल्लें

अशें वेळार त्या दबाज्यांत शंड जावन
तूं ताळयो मारीत रावलो, परकी रूचीकाडीत रावले
मर्दान पणाची आयली काकूळट अस्तुरी जावन
जैतिवंत जावन सगळे मुजरो करीत रावले
दिलो तुवें आशीर्वाद सासणांत उरपाचो
दिश्टांत जालो तेन्नामोग पिशें नाशिल्ल्याचो
कुंदन जावन तुजे खातीर वाट पळयत रावलें
आनी तुजेच सामकार सगळे चोंचीत रावले !!
सगळे चोंचीत रावले !!

कविता ही गुढ आनी अव्यक्त कशी दुसऱ्याक समजुपाक कठी
जावची अशें कांय कवींक कित्याक दिसता तें खबर ना. पूण कवि
चड 'ॲबस्ट्रॅक्ट' आसप म्हणल्यार कविता दर्जेदार आसता असो
कांय जाणांचो समज (?) आसता. मिलिंदाचो तसो समज ना ही ब
गजाल. कारण ताका ताची कविता वाचतल्यांक समजूंक जाय
ताचो पवित्र हेतू आसता आनी प्रत्येक कवीचो तो हेतू आसपाक जाय
कवितेंतलो एखादो विचार वा भावना लख्ख बरी व्यक्त जावं
जाय. कविता ही वाचप्यां खातीर आसता. ती धुवे भशेन आसता
धूव लग्न जावन घोवाघरा वता, तशी कविता ही वाचप्याच्या घरां
म्हणल्यार मतींत वता. मतींत रावता, बरी कविता वाचप्याच्या मनां
चीरकाळ घर करून रावता. एके बरे घर नंदयतले घरंदाज सु
भशेन.

मिलिंद हरिश्चंद्र काकोडकर

उजवाडाक आयिल्लीं पुस्तकां

१) मंथन (कोंकणी कविता संग्रह)
२) गोफ (मराठी कथा संग्रह)
३) वेणी (मराठी कविता संग्रह)
४) कुंदन (कोंकणी एकांकिका संग्रह)
५) शिमेपुरूस (कोंकणी नाटक)
६) मनीसपणाक जाग येता (कोंकणी नाटक)
७) उध्दार (कोंकणी नाटक)
८) संगत (कोंकणी नाटक)
९) शेणिल्लीं मनां (कोंकणी नाटक)
१०) पुतळयाचें अनावरण (कोंकणी नाटक)
११) नमा (मराठी कादंबरी)
१२) दर्द-ए-दिल (हिंदी कविता संग्रह)